**6 नोव्हेंबराक चोरिसां उत्पादकांची बसका**

ता. 30 ऑक्टोबर 2024

गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळ हे गोंय राज्यांतल्या उत्पादनां खातीर भुगोलीक चिन्न (GI) नोंदणी करपा खातीर नोडल एजन्सी म्हूण सध्या गोंयची सॉसेज (चोरीसां) उत्पादनांचेर काम करता. चोरिसां उत्पादकांक एका माचयेर हाडून गोंयच्या चोरिसां उत्पादकांची संघटना स्थापन करपाचो प्रस्ताव आसा. चोरिसां उत्पादनांक जीआय टॅग मेळोवन चोरिसां उत्पादनांचे ब्रँडिंग करपाक मजत जातली.

ते खातीर मंडळान राज्यभरांतल्या सगल्या चोरिसां उत्पादकांची 06 नोव्हेंबर 2024 दिसा पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत सांजेच्या 3.00 वरांचेर बसका आयोजीत केल्या. बसकेत चोरिसां उत्पादकांची संघटना स्थापन करपाचेर चर्चा जातली. अदीक म्हायती खातीर उत्पादकांनी नोडल अधिकारी श्री. दीपक परब, मो. नं. 9834553931 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/595

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.